**Panaji Regional 26th December 2025 7.25 am**

## गोंय शालान्त मंडळान

गोंय शालान्त मंडळान मार्च २०२६ धावेच्या परीक्षेचे अंतीम वेळापत्रक जाहीर केले. अंदूंची धावेची परिक्षा १३ मार्च २०२६ सावन सुरू जातली. पयली ही परिक्षा २ मार्च सावन सुरू जावपाची आसली. मुख्याध्यापक संघटणेच्या मागणेक लागून शालान्त मंडळान ही परिक्षा फुडें धुकलपाचो निर्णय घेतला. १३ मार्चाक इंग्लीश पेपर जातलो. ४ एप्रीलाक निमणो जॉग्रफी आनी इकोनॉमीक्स विशयाचो पेपर जातलो. हाचे उपरांत काय तंत्रीक विशयांचे पेपर जातलें. सकाळी साडे णव वरांचेर पेपराक सुरवात जातली. विद्यार्थ्यांनी सकाळी ९ मेरेन परिक्षा केंद्रांचेर पावप गरजेचें आसा. वेळापत्रक सगळ्या विद्यालयांनी धाडला.मजगती शालान्त मंडळान णवेच्या परीक्षेचे वेळापत्रक जाहीर केला. णवेची परिक्षा ४ मार्च ते १२ मार्च २०२६ मेरेन जातली.

## घवळी वखदाआड जागृताय मोहीम

गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणावतीन फाल्या 26 डिसेंबराक सांजे 5 वराचेर पर्वरी हांगच्या उच्च न्यायालय इमारतीत घुवळी वखता आड जागृताय मोहिमेचो शुभारंभ जातलो. भारताचे  सरन्यायाधीश सूर्यकांत हे मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आसतले. ही जागृताय मोहीम एक महिनो म्हंजे 30 दिस चलतली. मुंबय उच्च न्यायालयाचे मुखेल

न्यायाधीश चंद्रशेखर, प्रशासकीय न्यायाधीश महेश सोनक तशेच हेर न्यायाधीश आनी आदोवगाद कार्यावळीक हाजीर आसतले. राज्यात तशेच हेर कडेन घुवळी वखदांचो वापर वाडत आसा. घुवळी वखदा घातक आशिल्यान ताचे सेवन बंद जावचे, हे हेतान कायदो सेवा प्राधिकरणातर्फे ही जागृताय मोहीम सूरू जातली. खासा करून तरणाट्यामदी घुवळी वखादांचे सेवन करपाचे प्रमाण चड आसा.

दक्षिण गोयात नातालाची परब उमेदीन मनयली

पुराय गोया वांगडा दक्षिण गोयांतय नातालाची परब मोठ्या उमेदीन आणि भक्तीभावान मनयली. मडगाव तसेच हेर कडेन ह्या निमित्तान वेगवेगळ्या गावांतल्या इगर्जांनी रातच्या १२ वरांचेर मिस जावन येशू ख्रिस्त जल्माची घोषणा पाद्रींनी केली. उपरांत भाविकांनी एकामेकाक नातलाच्यो परबी  भेटयल्यो.
दक्षिण गोयांत ह्या निमतान वेगवेगळ्या सुवातानी येशू ख्रिस्त जल्माचे देखावे केल्यात आनी लोक ते पळोवपाक गर्दी करतात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीय देशवासीयांक नातालाची परबी भेटयल्या.

**वीर बाल दिस**

बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान भुरग्यांक ओपिल्लो राष्ट्रव्यापी उत्सव म्हणून 26 डिसेंबर 2025 दिसा वीर बाल दिस आयोजीत केला.ह्या उत्सवांत देशभरांत

सप्तकभर कार्यावळी चलतल्यो. 26 डिसेंबर, 2025 दिसा मुखेल कार्यावळ जातली जाका प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाजीर रावतले.दरेक शाळेंन ह्या सातकभरांत वीर बाल दिस उत्सवां निमतान चित्रकला, सृजनशील लेखन, गिन्यानाचेर आदारिल्ले खेळ, कथा सांगप आनी पुस्तक वाचपाचे सत्र, वादविवाद, स्किट, भुमिका-नाट्य, घोशणा-लेखन सर्ती, रॅली, गट चर्चा, जागृताय संदेश प्रसार करपी खेळ आनी फिटनेस कार्यावळी आदी कार्यावळीं आयोजीत करच्यो अशे राज्य शिक्षण संचालनालयान मागलां.

**फातर्प्या श्री शांतादुर्गा कुंकळ्ळीकरीण देवीचे जात्रेक सुरवात**

मडगाव: गोयांतल्या नामनेच्या जात्रेमदली एक आशिल्ल्या फातर्पे हांगाच्या श्री शांतादुर्गा कुंकळ्ळीकरीण देवीचे जात्रेक आयजसावन सुरवात जाली. ३० डिसेंबर मेरेन ही जात्रा चालू असतली.

आज सकाळी देवीच्यो विधी करून ही जत्रा सुरू जाली. जत्रेच्या पाचुय रातीनी देवीची वेगवेगळ्या तरेच्या रथातल्यान मिरवणूक जातली. हे जात्रे निमतान लाखांनी भाविक फातर्पा हांगा येवन देवीचे दर्शन घेतले.

**अप्रेन्टीशिप मेळो 40**

राज्य कुशळटाय संचालनालयान पणजेत 30 डिसेंबराक प्रधानमंत्री अप्रेटीशिप मेळ्याचे आयोजन केला. हो मेळो आल्तीनो हांगा 30 तारकेक सकाळी 9.30 वराचेर सूरू जातलो. आयटीआय उत्तीर्ण तशेच हेर तरणाट्यानी सकाळी 9 वराचेर हाजेरी लावन नावनोंदणी

करची. राज्यासयत राज्याभायल्यो कंपन्यो प्रशिक्षणार्थिंची निवड करपा खातीर मेळाव्याक हाजेरी लायतल्यो.

हवामान -

गोंय वेधशाळेन दिल्ले म्हायती प्रमाण पणजे चडानचड तापमान 32.8 डिग्री सेल्सियस इतले नोंद जाला जाल्यार उण्यात उणे 18.4 डिग्री सेल्सियस नोंद जाला. मुरगावा चडानचड तापमान 32.8 आनी उण्यात उणे 18.2 डिग्री सेल्सियस इतले नोंद जाला.

बुद्धिबळ -

गोंयचो बुद्धिबळ खेळगडो इथन वाझ हांणे 54व्या राष्ट्रीय ज्युनियर बुद्धिबळ सर्तीचे वस्तादपण मेळयले. सर्तीचे आयोजन झारखंड बुद्धिबळ संघटनेच्या सेरायकेल खारसावन जिल्लो बुद्धिबळ संघटनेन केल्ले. ह्या सर्तीत इथन वाझ हाका टॉप सीडींग मेळील्ले. ताणे 9व्या फेरयेत आंध्रप्रदेशच्या मोहम्मद इम्रानाक जाल्यार सातव्या फेरयेत फिडे मास्टर गुजरातच्या विवान विशाल शहाक आनी 10व्या फेरयेत महाराष्ट्राचो फिडे मास्टर जयवीर महेंद्रूक हारयले.